आकाशवाणी पणजी

परनदेशीक खबरा विभाग

PANAJI NATIONAL 30 MARCH 2026 AT 6.30 PM DEVASHRI

MERA BOOTH 50

प्रधान मंत्री आणि भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी HANI आज दनपारा 'मेरा बूथ, सबसे मजबूत संवाद' या कार्यक्रमांतर्गत आसामातल्या पक्ष कार्यकर्त्यां कडे संवाद साधलो. कार्यकर्त्यांक संबोधित करताना मोदी HANI म्हणले की, आसामातले वातावरण स्पष्ट असून राज्यातली जनता एनडीएक मतदान करपाक सज्ज आसा. या संवादा वेळार मोदींनी पक्षाक विक्रमी विजय मेळोवन दिवपाक कार्यकर्त्यांक रातदिस काम करपाचे आवाहन केले.

PM 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या गुजरातच्या एका दिसाच्या दौऱ्यार आसतले . या दौऱ्यादवेळार , महावीर जयंतीच्या शुभ मुहूर्तार मोदी गांधीनगरात 'सम्राट संप्रति संग्रहालया'चे उक्तावण करतले आणि उपस्थितांक संबोधित करतले . त्या उपरांत प्रधानमंत्री मोदी 'वाव-थराद' हांगा २० हजार कोटी रुपयांपर्स चड मोलाच्या वेग वेगळ्या विकास प्रकल्पांची बुन्याद घालतले, उक्तावण करतले आनी राष्ट्राक समर्पित करतले.

SITHARAMAN 70

ग्राहकांच्या माहितीची सुरक्षितता आणि गोपनीयता सुनिश्चित करपाक देशातल्यो बँको एका कडक कायदेशीर आणि नियामक चौकटीअंतर्गत काम करतात अशे आज लोकसभेत प्रश्नोत्तराच्या वरावेळार पुरवणी प्रश्नांक जाप दितना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला

सीतारामन हांणी म्हणले. भारतीय रिझर्व्ह बँकेन जारी केल्या 'नो your कस्टमर' (केवायसी) प्रणाली आणि मार्गदर्शक तत्त्वांप्रमाण, बँकांक ग्राहकांच्या माहितीची गोपनीयता राखप बंधन/कारक आसा अशे ताणी म्हळे Byte

IBC न डिसेंबर 2025 म्हणसर कंपनीक दिल्या तेक्या विशी उलयताना ताणी सांगले

NAIDU 140

नागरी हवाई येरादारी मंत्री के. राममोहन नायडू यांनी माहिती दिली की, भारताकडे एव्हिएशन टर्बाइन फ्युएल (atf ) चो फाव तितलो साठो आसा. आज राज्यसभेत प्रश्नोत्तराच्या वरां वेळार पुरवणी प्रश्नांक जाप दिताना . नायडू हांणी म्हणले की, देशाकडे मुखावेल्या ६० दिसां खातीर कसलीच आडमेळी नासताना पुरवण आसा. आनीक एका पुरव/णी प्रश्ननाक जाप जाप दिताना ताणी म्हणले की, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या दूरदृष्टीन फाटल्या १२ वर्षांत भारताच्या हवाई येरादारी क्षेत्रात उल्लेखनीय विकास जाला. विमानतळ, विमानां वा प्रवासी आसु, सगळे दुप्पट जाला आणि हवाई येरादारी क्षेत्रात अधिक मनीसबळची आवश्यकता आसा. मनीसबळ वाडोवपाक सरकार कुशळताय विकास आणि अभ्यासक्रमांक तेको दिता अशे सांगुन ताणी माहिती दिली की, राष्ट्रीय कुशळताय विकास महामंडळ (nsdc ) ची विमानतळ आणि विमान कंपन्यांच्या सहकार्यान चंदीगड आणि मुंबयत हवाई येरादारी कुशळताय कौशल्य प्रशिक्षणा खातीर दोन केंद्रा आसात. या केंद्रांमदी एक हजार चारशे बावन लोकाक प्रशिक्षण दिला आनी त्यांच्या कुशळताय पातळी प्रमाण आणि अभ्यासक्रमा प्रमाण त्यांची भरती करतात

गडकरी 70

तंत्रज्ञान-आधारित सेंद्रीय शेतीचो नवो टप्पो सुरवात करपाक भारत तयार आसा अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां. शेतवडीची

कार्यक्षमताय आनी टिकावूपण सुधारपा खातीर आधुनीक नवनिर्माण व्हड प्रमाणांत आपणावन देश मुखार वाटचाल करतलो अशें तांणी भर दिलो. आयज नवी दिल्लींत 'किसान कुंभ' कार्यावळीत उलयतना फुडल्या टप्प्यांत उत्पादन वाडोवपा वांगडाच खर्च उणो करपा खातीर कृत्रिम बुध्दीमत्ता (एआय), उपग्रह निरिक्षण आनी पर्यावरणीय पद्दतींचो वापर वाडोवपाचेर भर दितले अशें ताणी सांगलें.

शीतल 40

वर्ल्ड आर्चरीत भारताची शीतल देवीक पॅरा आर्चर ऑफ द इयर २०२५' म्हणून घोषित केला. फाटल्या वर्सा दक्षिण कोरियांतल्या ग्वांगजू शारांत जाल्ल्या संवसारीक पॅरा तिरंदाजी सर्तींत बायलांच्या कंपाउंड वैयक्तीक प्रकारात भांगरा पदक जिखपी जम्मू-काश्मीरांतली ही 19 वर्सां पिरायेची पयली आणि एकमेव आर्मलेस तिरंदाज थारली

वेदर 40

भारतीय हवामान खात्यान दिल्ली, चंडीगढ, हरियाणा, उदेंत राजस्थान, हिमाचल प्रदेश, मध्य महाराष्ट्र, पंजाब आनी उत्तराखंड हांचे खातीर 'ऑरेंज अलर्ट' जारी करून गडगड आनी गारांचे वादळ येवपाची शक्यताय उक्ताय्ल्या. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण आयज मराठवाडा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.